Panaji national

27.05.2025 at 6.30pm

Pm guj 140

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी गांधीनगरात महात्मा मंदिरात ५,हजार पाचशे छत्तीस कोटी रुपयांच्या विकास प्रकल्पांचे उक्तावण केले आणि बुन्याद घाली. हे प्रकल्प शारी विकास, मुळाव्यो सुविधा, जलसंपदा व्यवस्थापन, भलायकी सेवा आणि महसूल सेवा यासारख्या महत्त्वाच्या क्षेत्रांत आसपावतात. हालीच्या घडणुकां वेल्यान हे सिद्ध जाला की भारताविरुद्धचे तथाकथित प्रॉक्सी झुज हे खरे तर एक सुनियोजित झुजनीती आसा अशे एका भौशिक सभेत उलयताना ताणी म्हणले. ६ मे च्या घडणुके उपरांत, भारताक आता दहशतवादी कारवायांचे पुरावे दिवपाची गरज ना - आता

सीमेपलतडच्यानुच पुरावे मेळटात अशे ते उलयले. स्वातंत्र्याची १०० वर्सा पुराय जाले उपरांत विकसित भारताचे स्वप्न साध्य करपाक कसलीच कोणतीही तडजोड करचे ना आणि हे स्वप्न साकार करपाक प्रत्येक नागरिकान आपली भूमिका निभावुक जाय पाहिजे अशेय ताणी म्हणले. भारताक जगातल्या तीन प्रमुख अर्थव्यवस्थांपैकी एक करपाक टियर २ आणि टियर ३ शारांचो आर्थिक विकास अत्यंत महत्वाचो आसा अशेय ताणी सांगले आनी देशवासीयांक मेक इन इंडिया उत्पादनांचो वापर कर पाचे आवाहनय केले.

Fishery 20

सरकार नुस्तेमारी क्षेत्राच्या उदरगतिक चालना दिवपाक जायत्यो योजना चालिक लायतात. आता आयकात आकाशवाणी पणजीन ह्याच संदर्भात तयार केल्लो मानसी चंदगडकर हाणी धाडिलो हो खास रिपोर्ट ( byte)

Pradhan 90

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी म्हळा की, राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० हे देशातले फुडाराचे शिक्षणा खातीर महत्त्वाचे आसा आणि पारंपारिक मूल्या सांबाळल्यात. नवी दिल्लीत मीडिया नेटवर्कच्या शिक्षण परिषदेत उलयताना, मंत्र्यांनी भर दिलो की राष्ट्रीय शिक्षण धोरण हे भारतातल्या शिक्षणाचो फुडार घडोवपी एक दूरदर्शी चौकट म्हणून उदेला. मुळाव्यो सुविधा, समावेशकता आणि आधुनिकीकरणाचेर भर दिवन भारतान शिक्षण क्षेत्रात उल्लेखनीय प्रगती केल्या अशे ते उलयले. शिक्षण हे सदाच भारतातल्या तरणाट्यां खातीर एक प्रमुख आधारस्तंभ आणि प्रमुख आकर्षण थारला. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० ही एक दूरगामी विचारसरणीची चौकट जाल्या जी देशातल्या शिक्षणाच्या फुडाराचेर परिणाम करता अशे ते मुखार उलयले.

Paraguay 60

पॅराग्वेचे राष्ट्रध्यक्ष सँटियागो पेना पॅलासिओस फुडल्या महिन्याच्या २ ते ४ तारखे मेरेन भारत दौऱ्यार येतले. तांचे वांगडा मंत्री, वरिष्ठ अधिकारी आणि व्यावसायिक प्रतिनिधींचो समावेश आशिले उच्चस्तरीय शिष्टमंडळ आसतले.

Weather 30

भारतीय हवामान खात्यान मुंबईसयत महाराष्ट्रातल्या ९ जिल्ह्यांत घोग्यांनी पाऊस आणि वादळाचो रेड अलर्ट जारी केला . राज्य सरकारान नागरिकांक हवामान सूचनांचे पालन करपाचे आणि गरजेचे नासल्यार भायर सरचे न्ही अशे आवाहन केला

Ipl 25

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत आयज सांजवेळा लखनौच्या एकाना क्रिकेट स्टेडियमांर लखनौ सुपर जायंटस हो पंगड रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूह्या पंगडा आड खेळटले . हो खेळ सांजवेळा 7:30 वरांचेर सुरु जातलो